**<u>एप्रिल- 2022 म्हयन्याचो रेशन कोटा</u>**

ता. 23 मार्च 2022

एप्रिल-2022 म्हयन्यात अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक 3 रूपया दरान 35 किलो तांदुळ दितले. प्राधान्यक्रम कुटुंबांक 3 रूपया दरान लावधारका फाटल्यान 5 किलो तांदुळ दितले.

एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान प्रती कार्ड 8 किलो तांदुळ आनी 10 रूपया दरान 6 किलो गंव दितले.

कल्याणकारी संस्थां येवजण कार्डधारकांक तांदुळ 6.15 रूपया दरान आनी गंव 4.80 रूपया दरान वितरीत करतले.

सवाय धान्य दुकान मालकांनी 31 मार्च 2022 मेरेन आपलो धान्य कोटा व्हरून रेशन कार्डधारकांक वितरीत करचो. रेशन कार्डधारकांनी आपलो रेशन कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानातल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार रेशन कार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/194

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji